**<u>हॉस्पिटेलिटी क्षेत्रांतल्या कॅरियर संदींचेर वेबिनार</u>**

ता. 2 ऑगस्ट 2021

मुख्यमंत्री कार्यालय आनी खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान गोंयच्या युवकांखातीर 4 ऑगस्ट 2021 दिसा सांजेच्या 5.00 वरांचेर "गोंयच्या युवकांखातीर हॉस्पिटेलिटी, रिटेल एण्ड इवेंट्स क्षेत्रांत कॅरियर संदीं" ह्या विशयाचेर लाईव्ह वेबिनार आयोजीत केला. वेबिनार मुख्यमंत्री कार्यालय यु ट्युब चॅनल आनी फेसबुक पेजीचेर लाईव्ह आसतलो. https://youtu.be/W9piPa8U9WA. Bit.ly/opportunitiesGoa ह्या वेबसायट/लिंकावयल्यान वेबिनाराक सहभागी जावपाक मेळटले.

गोंयच्या तरणांट्यांक कॅरियरविशीं मार्गदर्शन करपा खातीर ह्या वेबिनाराचे आयोजन केला. वेबिनाराच्या सुरवातीक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत युवकांक मार्गदर्शन करतले. उपरांत ताज गोवाचे विभागीय संचालक विन्सेंट रॅमोस हे हॉस्पिटेलिटी, पर्यटन, हॉटेल्स आनी हेर क्षेत्रांतल्या संदींचेर मार्गदर्शन करतले.

तशेंच मॅगसनचे सीईओ किरिट मगनलाल हे रिटेल उद्देगांतल्यो कॅरियर संदीं आनी क्रॉसक्राफ्टचे वेवस्थापकीय संचालक सेर्राव सुकूर हे इवेंट्स क्षेत्रांतल्या कॅरियर संदींचेर मार्गदर्शन करतले.

वयल्या क्षेत्रांनी रोजगांर मेळोवपाक इत्सुक आशिल्ल्या शाळां, महाविद्यालयांचे विद्यार्थी, युवक आनी पालक तशेंच शिक्षकांनी ह्या वेबिनाराचो लाव घेवचो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/638

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji